**Regional news 25.12.2025 7.25 am.**

RASHMI 78

आयज संवसारभर नाताळ मनयतात. संवसारभर किरिस्तांव भावंडा जेजू क्रिस्ताचो जल्म निमतान नाताळ मनयतात. ह्या निमतान लोक नाताळाचें झाड, नखेत्र, घरां सजयतात. सगळ्या इगर्जांनी नाताळाच्यो खाशेल्यो सेवा आनी कार्यावळी घडोवन हाडटात. आर्चबिशपान फीलीप नेरी फेर्राव हांणी गोंयकारांक नातलाची परबी भेटयतना लोकांक अस्वस्थ संवसारांत शांतताय, जुलूमींक न्याय आनी कुटुंबांक, शेजाराक आनी गरजेवंतांक भावपणाची आनी मोगान आनी एकामकाक आदार दीवपाचो संदेश दीला.“
Byte

RASHMI 200

नोकरभरती आयोगावरवी पारदर्शक नोकरभरती प्रक्रिया,आत्मनिर्भर भारत संकल्पनेची देख घेत स्वंयपुर्ण गोंय करपाचो उपक्रम, एस.अय.टी वरवी जमिन बळकटावपी गुन्ह्याचेरं खर कारवाय, उद्देजक मळाक घटमुट करपाच्या हेतान ease of doing the buisness पधद्तीन सुटसुटीतपणा ह्या सारख महत्वाचे निर्णय गोंय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.ते-पणजे इ- पंचजन्य च्या चवथ्य आवृत्तीत सागर मंथन सुसासन संवाद ह्य कार्यावळीत उलयताले. उलयताले.गोंयचो इतिहास पोर्तुगीज रावजटीपुरती मर्यादित ना, हांगा कदंब, शिवाजी अशे १३ तऱ्हेच्यो राजवटी जांवन गेल्यात गोंयांक गिरसेत इतिहासाचो वारसो आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.राज्य आंतरराश्ट्रीय मळावेल्या पर्यटन थळांच्य सर्तीच्या यादीत आसा, गोंयात येवपी पर्यटक कमी जावंक ना, मात पर्यटन मळार काय आव्हाना राज्यामुकार आसात , ते प्रस्न सुटावे करपाक राज्य सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. म्हजे घर येवजणेचो लांव गंयच्या ८० टक्के लोकसंक्येक जातलो असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. प्रदानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच् यापउडारपणाखाला

भाजपाच्य सराकाराच्या डबल इंजिन सरकारान गोंयचो साद सुविदांच्य बाबतीन महत्वाची उदरगत केला. म्हामार्ग रुंदिकरण, विमानतळ, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय आनी कॉलेजीचो सुपर स्पेशेलिटी ब्लॉक,आग्वाद जेलीचे वस्तुसगंरहालयात रुपांतरण, पंचायतीवरवी महत्वाचे उदरगतीची कामा, शिक्षण मळार महत्वाच्यो अत्याधुनिक सुविधा, तशेंच केंद्र सरकाराच् यागतीशक्ती उपक्रमावरवी गोंयचो बंदर, विमातळ आनी रेल्वे जोडमी सक्षम करुन गोयाक लोजिस्टीक केंद्र करपाचे काम नेटना सुरु आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या.

GANESH 78

शालान्त मंडळा वतीन अंदूच्या शिक्षणीक वर्साची धावेची परिक्षा 13 मार्च 2026 सावन सुरू जातली. शालान्त मंडळान धावेच्या परिक्षेचे निमणे वेळापत्रक जाहीर केलां. पयली ही परिक्षा 2 मार्च सावन सुरू जावपाची आसली. 13 मार्चाक इंग्लीश पेपर जातलो. 4 एप्रीलाक निमणो जॉग्रफी आनी इकोनॉमीक्स विशयाचो पेपर जातलो. हाचे उपरांत काय तंत्रीक विशयांचे पेपर जातलें. सकाळी 9.30 वराचेर पेपराक सुरवात जातली. विद्यार्थ्यांनी सकाळी 9 मेरेन परिक्षा केंद्रांचेर पावप गरजेचें आसा. वेळापत्रक सगळ्या विद्यालयांनी धाडला, अशी म्हायती अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी दिली.

RASHMI 120

बांबोळे कुजिरा हांगा आशिल्या एथलिट स्टेडियमाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी अटल स्टेडीयम अशे नामकरण जाले. देशाचे आदले प्रधानमंत्री अटल सेतु हांची २५ डिसेंबराक १०० वी जंयती. ते फांटभुयेर हया एथलिट स्टेडीयमाक अटल बिहारी वाजपेयी हांचे नाव दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतिल्लयाची म्हायती हयावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला. गोयाकडे अटल बिहारी वाजपेयी हांचेशी संबंधित खुबश्यो यादी आसात तांणी म्हणला. अटल बिहारी वाजपेयी हे हे राष्ट्रवादाचे प्रखर प्रणेते आशिल्ले, तांचच्य कामाची छाप आजुनुयदेसाच्य जनतेचेर आसा, तांचे सरकार आनी तांची विचारसरणी प्रेरणा दायी आशिल्ली अशे

मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हळाह्यावेळार खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी अटर बिहारी वाजपेयी हांणी अटल बिहारी वाजपेयी हाचे काम आयच्य तरणाट्या पिळगेक उर्बा दिवपी आसा. अशे म्हणले.ह्यावेळार खेळा संचालक अजय गावडे, तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Sushant 38

मडगाव हांगाच्या रवींद्र भवनाच्या परिषद घराक लयभास्कर खापरूमाम पर्वतकर हांचे नाव दिवपाचो निर्णय घेतला.रवींद्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हाणी आज पत्रकार परिषद घेऊन ही माहिती दिली.शेनवार २७ डिसेंबर दिसा हो नाव दिवपाचो सुवाळो जातलो अशी माहिती ताणी दिली.

sports

गोंय विद्यापीठ, जीव्हीएम, फार्मागुडी आनी ज्ञानप्रसारक मंडळ म्हाविद्यालयान आयोजीत kellya आंतर महाविद्यालयीन एथलेटिक्स सर्तीत दादले आनी बायलांच्या विभागांत nyanprsarak मंडळ म्हाविद्यालयान विजेतेपद मेळयले

वेदर 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान बत्तीस पूज्य दोन डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान अठरा पूज्य एक डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला..राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलकेते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणलाआणि ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो मुखवले प्रादेशिक खबरपात्र तुमका आयज सांजे 7 वरा 2० मीटनी आयकूंक मेळटले नमस्कार